Akashwani Panaji 5th November 2026 National news 8.40 am

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी खेळां संकुलांत आशियाई पॅरा गेम्स 2026 वर्सा वाटेकर जाल्ल्या भारतीय पंगडाच्या वांगड्या कडेन संवाद सादतले.

* केंद्रीय मंत्रीमंडळान ७५% अग्निवीरांक दोन वर्षांची मुदतवाढ दिव्पाक मंजुरी दिल्या

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज आंबाला कँटांत हुतात्मा स्मारकाचे उक्तावण करतले.

* विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी राष्ट्रकुल देशांक पुरवण साखळींत विविधताय हाडची अशें सांगलां.

pm 57

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी खेळां संकुलांत आशियाई पॅरा गेम्स 2026 वर्सा वाटेकर जाल्ल्या भारतीय पंगडाच्या वांगड्या कडेन संवाद सादतले. तशेंच ह्या निमतान ते मेलाव्यक मार्गदर्शन करतले. जपानांतल्या आयची-नागोया हांगा जाल्ल्या आशियाई पॅरा खेळां सर्तींत भारतान 97 पॅरा खेळगड्यांक वट्ट 114 पदकां मेळयलीं. पदकांच्या संख्येंत 30 भांगरा, 35 रुप्या पदकां आनी 49 कांस्य पदकांचो आस्पाव जाता.

अग्निवीर 80

केंद्रीय मंत्रीमंडळान अशा ७५% अग्निवीरांक दोन वर्षांची मुदतवाढ दिव्पाक मंजुरी दिल्या जान्चो चार वर्षांचो कार्यकाळ पूराय जाल्या उपरांत तांका सेवामुक्त करपाचे अशील्ले. ह्या अतिरिक्त काळांत तांकां अधिक वेतन मेळटले आनी जे इच्छुक असतात तांका सशस्त्र दळांत कायमस्वरूपी सामावून घेऊक शकता. ते

भायर 25% अग्निवीरांची तांची गुणवत्ता आनी कामगिरीच्या आदाराचेर नेमान सशस्त्र दळांत कायम भरती करपा खातीर निवड जातली. अग्निवीरांच्या पयल्या गटान चार वर्सांची सेवा पुराय केल्या उपरांत आनी लश्करान तांचें सकारात्मक मुल्यांकन केल्या उपरांत हो निर्णय घेतला.हे विशी जनरल एन.एस. राजा सुब्रमणी हाणी सांगले BYTE

वैष्णव 80

भारताची निवळ उर्जा कार्यावळ आनीक घटमूट करपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान 92 गीगावॅट वरा क्षमतेच्या उर्जा सांठोवपाचे येवजणेक मान्यताय दिल्या. आयज दनपारां नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, ही येवजण राज्य सरकारांच्या सहकार्यान चालीक लायतले, जाका लागून देशभरांत साठवण क्षमतेचें समान वांटप जातलें. नितळ उर्जेच्या अंमलबजावणींत भारतान संवसारीक पांवड्यार नवे मानक प्रस्थापित केल्यात अशें वैष्णव हांणी सांगलें. BYTE

Shah140

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज आंबाला कँटांत 1857 वर्सा जाल्ल्या पयल्या स्वातंत्र्याच्या झुजाच्या हुतात्म्यांच्या उगडासन बांदिल्ल्या हुतात्मा स्मारकाचे उक्तावण करतले. सुमार 22 एकर वाठारांत सुमार 800 कोटी रुपया खर्च करून बांदिल्लें हें भव्य स्मारक हरियाणाच्या इतिहासीक दायजाचो एक भाग म्हूण एक वेगळी वळख स्थापन करतलें असो उल्लेख गोयलान केला. १८५७ वर्सांच्या स्वातंत्र्य संघर्शाकडेन संबंदीत आशिल्ल्या ७०० वयर धाडसी हुतात्म्यांचीं नांवां हया स्मारकाचेर भांगराच्या अक्षरांनी कोरांतिल्लीं आसात. आधुनीक तंत्रगिन्यानाच्या वापरा वरवीं स्वातंत्र्य संघर्शाची गाथा स्मारकाचेर जिवी जाल्या अशें भाजपा फुडाऱ्यान स्पश्ट केलें. हुतात्मा स्मारकाचे उक्तावण जाले उपरांत केंद्रीय गृहमंत्री आंबाला हांगाच्या गांधी मैदानाचेर व्हड भौशीक बसकेंत उलोवप करतले .

JOSHI

नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी सांगला की, २०२७-३० या आर्थिक वर्षांत देशातली स्वच्छ ऊर्जा क्षेत्रात सुमार २२० अब्ज अमेरिकन डॉलर्सच्या गुंतवणुकीची संध उपलब्ध आसा. 'भारत नवीकरणीय ऊर्जा शिखर परिषद २०२६' च्या निमित्तान जोशीनी 'कॅनडा पेन्शन प्लॅन इन्व्हेस्टमेंट बोर्ड' (CPP Investments) चे वरिष्ठ व्यवस्थापकीय संचालक आणि 'रिअल ॲसेट्स' विभागाचे जागतिक प्रमुख मॅक्सिमिलियन बियागोश कडे चर्चा केली. या भेटी वेळार, मंत्र्यांनी देशातल्या नवीकरणीय ऊर्जा क्षेत्रात सुमार २० हजार कोटीवयर रुपयांची गुंतवणूक केल्या बद्दल सांगले. सोशल मीडियावेल्या एका पोस्टात ताणी नमूद केले की, या चर्चेत भारता वांगडची भागीदारी अधिक घटट करपाचेर आणि देशाच्या स्वच्छ ऊर्जा परिवर्तनामदी ताचो सहभाग वा डोवपाचेर भर दिला. ताणी बॅटरी स्टोरेज, सयत नवीकरणीय ऊर्जा, हायब्रिड प्रकल्प, वीज प्रसारण आणि 'क्लीन-टेक' उत्पादन यांसारख्या क्षेत्रांमधल्या गुंतवणुकीच्या व्हड संधीं चेरूय उजवाड घालो byte

राजनाथ 50

भारत-पॅसिफिकाचो फुडार फकत तंत्रगिन्याना वरवीं तयार जावचो ना, पूण देश त्या तंत्रगिन्यानाचो बुद्धीन वापर कसो करतात, भागीदारी कशी तयार करतात आनी राश्ट्रां मदीं विस्वास कसो तयार करतात हाचेर आदारून आसतलो अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलें. हया सामुहीक यत्नांत भारत योगदान दिवपाक तयार आसा अशें तांणी नवी दिल्लींत जाल्ल्या ‘इंडो-पॅसिफिक प्रादेशिक संवाद’ च्या यादस्तीक सत्रात उलयतना सांगलें. Byte

गडकरी 60

देशांत इलेक्ट्रीक वाहनांची बाजारपेठ विस्तारत आसा अशें रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या ‘ईव्ही इकोसिस्टम ॲवॉर्ड्स’ कार्यावळींत उलयतना गडकरी हांणी ईव्ही इकोसिस्टम घटमूट केल्यार अर्थीक कार्यक्षमताय वाडटली अशें सांगलें. इलेक्ट्रीक मोबिलिटीक चालना दिल्यार आयात केल्ल्या पेट्रोलियमाचेर देशाचें अवलंबन उणें जातलें, प्रदुशणाचेर आळाबंदा हाडपाक मदत जातली आनी इलेक्ट्रीक वाहन क्षेत्रांत भारताची आत्मनिर्भरताय घटमूट जातली अशें तांणी नमूद केले. Byte

Jaishankar

विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी राष्ट्रकुल देशांक ल्हान, विस्वासांत घेवपा सारके मार्गांनी पुरवण साखळींत विविधताय हाडची अशें सांगलां आनी बरे जोडणी केल्यार वेपार आनी वेवसाय वाडटलो अशें सांगलां. सेंट जॉन्स, अँटीगुआ आनी बार्बुडा हांगा जाल्ल्या राष्ट्रकुल सरकार मुखेल्यांच्या बसके वेळार २०२६ वर्सा वेवसायीक फुडाऱ्यांचे बसकेंत उलोवप केलें . थळावें वितरण जाळें, कुशळटाय उदरगत आनी क्षमता निर्माण करपाची गरज आसा हाचेर भर दिलो. आंतरराष्ट्रीय सौर युती आनी आपत्ती लवचीक मुळाव्या साधनसुविधां खातीर युती वरवीं हवामान कृतीचेर सहकार्याचो उलो मारून मानवतावादी मजतीक आदार दिवपाक थळाव्या केंद्रांची गरज आसा हाचेर भर दिलो.

cricket 26

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारतान ऑकलँडांत पावसाच्या परिणामांतल्यान आयिल्ल्या पयल्या एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय खेळांत यजमान न्यूझीलंडाचेर पांच विकेटींनी जैत मेळयलां

Imd

भारतीय हवामान खात्यान दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. वीज वारें वांगडा गडगड आंध्रप्रदेशात पातळूंक शकता अशें हवामान खात्यान सांगलां.

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी खेळां संकुलांत आशियाई पॅरा गेम्स 2026 वर्सा वाटेकर जाल्ल्या भारतीय पंगडाच्या वांगड्या कडेन संवाद सादतले.

* केंद्रीय मंत्रीमंडळान ७५% अग्निवीरांक दोन वर्षांची मुदतवाढ दिव्पाक मंजुरी दिल्या

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज आंबाला कँटांत हुतात्मा स्मारकाचे उक्तावण करतले.

* विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी राष्ट्रकुल देशांक पुरवण साखळींत विविधताय हाडची अशें सांगलां.

Ani itlyna hyo rashtriy khabro soplyomukhavele rashtriy Khabra patr tumka aayj sanje 6 vra 30 minitani aykunk meltale namaskar .